राजश्री कामत प्रादेशिक खबरो १३ ०९ २०२५ @ ७.२० pm

चवकशी वा तपास योग्य तरेन जावन गुन्यावकार सुटपाक जाय ना, म्हूण कायद्याविशी प्रशीक्षण दिवप गरजेचे थारता, अशेंमुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला

सरकारान सुरू केल्यो वस्तू आणि सेवा कर सुधारणा २२ सप्टेंबर सावन लागू जाता हेच फाटभुयेर मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हन्च्या मुलाखतीचो दुसरो भाग आकाशवाणी पणजेच्या म्हादय आनी FM चेन्लावेल्यान फाल्या सकाळी साडेसात वरांचेर प्रसारित जातलो.

भारत हरित हायड्रोजन नवोपक्रमाचे जागतिक केंद्र म्हणून उदेपाक सज्ज आसा अशे केंद्रीय नवीन आणि नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद येसो नाईक हाणी विश्वास व्यक्त केला.

गणेश 80

पिडीतांचो त्रास उणो जावपा सयत गुन्यावकारय सुटपाक जाय ना तर पुलीस, अभियोक्ते आनी हेर संबंधीतांमदी समन्वय आसपाक जाय. समन्वय नासलो जाल्यार गुन्यावकार सुटतात, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. चवकशी वा तपास योग्य तरेन जावन गुन्यावकार सुटपाक जाय ना, म्हूण कायद्याविशी प्रशीक्षण दिवप गरजेचे थारता, अशेंय तांणी म्हणले. तीन नव्या कायद्याविशी पुलीस, अभियोक्ते आनी फॉरेन्सीक अधिकाऱ्यांक प्रशीक्षण दिवपी कार्यावळ जाली. तीनूय खात्याच्या मेळून 65 अधिकाऱ्यांक प्रशीक्षण दिले. आल्तिनो पणजी हांगा जाल्ले कार्यावळीच्या समारोपाक मुखेल सोयरे म्हूण मुखेलमंत्री हाजीर आशिल्ले.

रश्मी 130

आधुनीकतेक आपणायत पारदर्शक न्याय वेवस्था आनी गोंय खातीर योग्य, कार्यक्षम पुलीस दळ उबारखातीर गोंय सरकार आनी गृह खाते सदाच कार्यरत आसता अशे

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. पुलिशेत घटमुट भलायकी आशिल्ले पुलिसुच समाजाक बरी सेवा दिंवक शकतात अशे ह्यावार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

सरकारान सुरू केल्यो  वस्तू आणि सेवा कर सुधारणा २२ सप्टेंबर सावन गिरायकांच्या दिसपट्यां वापराच्या वेगवेगळ्या वस्तूं वेलो कर दर कमी करपाक सज्ज आसात. हेच फाटभुयेर  मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हाणी आकाशवाणी पणजी केन्द्राक भेट दिवन  गोय आणि गोयकारक जावपी फायदो आणि अधिक माहिती जाणून घेवपाक आकाशवाणीच्या खबरा विभागाक  खाशेली मुलाखत दीली. सुधारित GST चो फायदो सर्व सामान्य मन्शाक नक्कीच 100 टक्के जातलो.लक्झरी वस्तू पासून चारचाकी ते दुचाकी, साधे हॉटेल ते समान्य पाव घेवपाक लेगीत जातलो अशे मुखेल्मंत्री उलयले. Byte

ह्याच मुलाखतीचो दुसरो भाग  आकाशवाणी पणजेच्या म्हादय आनी FM चेन्लावेल्यान फाल्या सकाळी साडेसात वरांचेर प्रसारित जातलो.

डेस्क 40

पंजाबातल्या हुंवारग्रस्तांक आवश्यक मदत साहित्य पावयल्याबद्दल गोयातल्या वास्को आणि फोंणेच्या शीख समुदायान महालक्ष्मी अल्तिन हांगा आमदार दाजी सालकराच्या उपस्थितीत मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांचे उपकार मानले. समुदायाचे फुडारी  जसवंत सिंग भाटी यांनी शीख समुदायाच्या सदस्यांसयत विविधतेत एकतेची भावना अधोरेखित करत कृतज्ञता उक्तायली आणि आशीर्वाद दिले.

श्रीपाद 100

भारत हरित हायड्रोजन नवोपक्रमाचे जागतिक केंद्र म्हणून उदेपाक  सज्ज आसा अशे केंद्रीय नवीन आणि नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद येसो नाईक  हाणी विश्वास व्यक्त केला. काल नवी दिल्लीत जाल्या दोन दिसांच्या पयल्या हरित हायड्रोजन संशोधन आणि विकास परिषदेच्या समारोप सत्रात उलयाना  मंत्रयानी हे सांगले. हरित हायड्रोजनचे महत्त्व अधोरेखित करताना, नाईक हाणी म्हणले की,

हे इंधन सगळ्यात कठीण क्षेत्रांक कार्बनमुक्त करण्याचे, नवीन व्यापार सीमा उघडपाचे आणि स्वच्छ आणि सुरक्षित भविष्य निर्माण करपाचे उतर दिता. भारतान २०७० मेरेन निव्वळ शून्य उत्सर्जन साध्य करपाच्या प्रवासाक सुरुवात केल्या हे परत सांगताना, नाईक हाणी म्हणले की, राष्ट्रीय हरित हायड्रोजन मोहिमे वरवी भारत हायड्रोजन तंत्रज्ञानातले नवोपक्रम, उत्पादन आणि तैनातीखातीर जागतिक केंद्र म्हणून उदेतलो

टपाल 130

63 व्या विभागीय पांवड्यावेली टपाल न्यायालय टपाल अदालत गोंय फाट्याच्या पणजी हांगाच्या पोस्टमास्टर जनरल कार्यालयान 30 सप्टेंबराक घडोवन हाडटले. कागाळींचे प्रभावी निवारण करपाच्या हेतान अशी लोक अदालत वेळोवेळ टपाल खाते घडोवन हाडटा. ह्या निमित्तान टपाल खात्याचे अधिकारी पीडित गिरायकांक मेळटात, तांच्या कागाळीं विशीं म्हायती एकठांय करतात आनी तांचे बेगीन निवारण करपा खातीर कारवाय सुरू करतात. गोंय क्षेत्र टपाल सेवा संबंदीत कागाळी 6 सप्तकां भितर सुटावे जावंक नात त्यो कागाळी ह्या टपाल अदालतांत घेतले. टपाल, स्पीड पोस्ट, काउंटर सेवा, बचत बँक आनी मनी ऑर्डर हांचे फारीक करूंक नाशिल्ल्या विशीची कागाळीय ह्या लोक अदालतांत घेतले. नोंदणीकृत कागाळींत नांवां तारिक ज्या अधिकाऱ्यांकडे मूळ कागाळ केल्ली ताचे पद अशी म्हायती आसपाक जाय . इत्सूक गिरायकांनी टपाल सेवा संबंदीं आपल्यो कागाळी दोन प्रतीं करून टपाल सेवा-1, पोस्टमास्टर जनरल कार्यालय, गोवा वाठार, पणजी धाडूंक शकतात.कागाळी धाडपाची निमाणी तारीक 20 सप्टेंबर आसा.

GST 70

स्वातंत्र्य दिसा लाल किल्ल्याच्या तटबंदीवेल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी next generation जीएसटी सुदारणांची घोशणा केली. ह्या म्हयन्याचे 3 तारखेक जीएसटी काउन्सिलान कितल्याशाच क्षेत्रांत कर दर उणे करून नागरिकांचें जिवीत सोंपें करपा खातीर सपन पुराय केलें. ह्या जीएसटी सुदारणांक लागून सरकारान गरजेच्या

खाद्यपदार्थांचेर आनी स्थिर उत्पादनांचेर कर उणो करून नागरिकांक व्हड थाकाय दिल्या. सरकारान पयलींच्या 12 टक्के आनी 18 टक्के स्लॅबांतल्यान कर दर 5 टक्के आनी शून्य केला. चीज, बिस्किट, चॉकलेटी सयत उत्पादनां 5 टक्के जीएसटी खाला हाडल्यात.byte

सुभाष 110

छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या शौर्या विशीं जागृताय निर्माण करपा खातीर अखिल गोमंतक शिवमोगी संघटनेन राज्य पांवड्यार किल्लो बांदपाची सर्त आयोजीत केल्या. १५ ऑक्टोबर मेरेन ह्या सर्ती खातीर नोंदणी करची अशें आवाहन आयोजकांनी केलां. सर्ती खातीर नोंदणी ऑनलायन करची पडटली. नोंदणीची लिंक रोखडीच दितले. ही सर्त वैयक्तीक आनी गट विभागांत जातली. वैयक्तीक गटांत १ चौखण मिटर सुवातेत किल्लो बांदचो पडटलो. गट विभागान वर्गांत ४ चौखण मिटर सुवातींत किल्लो बांदचो पडटलो. किल्लो बांदले उपरांत ताची म्हायती, फोटो आनी ३० सेकंदांचो व्हिडियो आयोजकांक धाडचो पडटलो. सर्ती खातीर वैयक्तीक वर्गा खातीर नोंदणी शुल्क ५० रुपया आनी पंगडा खातीर १०० रुपया आसा अशी माहिती अखिल गोमंतक शिवमोगी संघटनेन दिल्या. फकत पर्यावरण स्नेही वस्तुंचोच वापर करून किल्लो बांदचो अशी मुखेल अट ह्या सर्तींत आसपावता.

गणेश 90

तांत्रीक साहाय्यक, तांत्रीक अधिकारी तशेच साहाय्यक शिक्षकांच्या पदां खातीर आयज 13 सप्टेंबर आनी आयतार 14 सप्टेंबराक सीबीटी परीक्षा जाता. हे परिक्षे खातीर हेर गटांतल्या उमेदवारां परस दिव्यांग उमेदवारांक 35 मिनटांचो चड वेळ मेळटलो. 80 गुणांच्या पेपरा खातीर सगल्या उमेदवारांक 100 मिनटांचो वेळ आसतलो, मात दिव्यांग उमेदवारांक 135 मिनटां पेपरा खातीर मेळटलीं.
तांत्रीक साहाय्यक (कॉम्प्युटर/इलेक्ट्रॉनिक्स/आयटी), प्रोग्रामर, तांत्रीक अधिकारी, कनिश्ठ तांत्रीक अधिकारी पदा खातीर 14 सप्टेंबराक परिक्षा जातली.

तांत्रिक साहाय्यक (सीवील) पदा खातीर 14 सप्टेंबराक दनपरां 3.30 ते 5.10 ह्या वेळार परिक्षा जातली. वयल्या पांच केंद्रांचेर परिक्षा जातली. साहाय्यक शिक्षक पदा खातीर एकूच सीबीटी जातली. ते खातीर स भाग केल्यात.

DIP 120

गोंय राज्य फोटो सर्त आनी प्रदर्शन येवजण -2014 खाला म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें प्रवेशिका मागयल्या.फोटो सर्तीचे दोन श्रेणी आसात. वर्ग-1 खातीर विकसीत गोंय - राज्याची सर्वांगीण उदरगत आनी वर्ग-2 खातीर गोंयचीं रानां आनी वन्यजीव. गोंयची सैमिक सौंदर्य प्रदर्शित करप अदभूत भूंयप्रदेश, दोंगर, तळीं, न्हंयो आदी सयत सैमीक सोबीतकाय दाखोवपी हे विशय आसात. दरेक प्रवेशिकेचेर फोटोग्राफराचे नांव, राष्ट्रीयत्व, टपाल पत्तो, मोबायल/दूरध्वनी क्रमांक, ई-मेल फोटो फाटल्यान व्हड अक्षरांनी आसपावपाक जाय. वापरिल्लो कॅमेरो सारको तंत्रीक तपशील नोंदीय धाडची. प्रवेशा खातीर मोबायल आनी ड्रोन प्रतिमा विचारांत घेवचे नात. फोटोग्राफराचे फोटो आनी बायोडेटा दरेकीं 100 उतरां परस चड आसूंक फावना. सगळे फोटो मूळ स्वरूपाची आनी स्वता काढलेली आसात हे प्रमाणपत्र जोडचें.. सर्तीत वांटो घेवपा खातीर प्रवेश शुल्क ना, पिरायेची अट ना. सादर करपाची निमाणी तारीक 10 ऑक्टोबर आसा

स्पोर्ट्स 60

गोयच्या बायला पंगडान राजमाता करंडक राष्ट्रीय जेष्ठ फुटबॉल सर्तीत सलग दुसरया जैताची नोंद करताना मध्य प्रदेशाचेर दणदणीत जैत जोडले.

अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघान ऑक्टोबर नोव्हेंबरात जावपी सुपर कप फुत्लोल सरती खातीर गोयाक पसंती दिल्या. गोयात खेळ फातोर्डा आनी बांबोळी स्टेडियमाचेर जातले.

कर्नाटक राज्य क्रिकेट संघटनेच्या डॉ कॅप्टन के थीमप्पिया यादस्तिक क्रिकेट सरतीत गोय आणि महाराष्ट्र हांचे मदलो चार दिसांचो खेळ अनिरनित उरलो

हवामान 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २५.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता .वारे वराक 30 ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 50 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला